आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date :20/08/2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

मुखेल्मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी आयज नवी दिल्लींत माननीय प्रधानमंत्री नरेंदर मोदी हांची भेट घेतली

कायदो आनी न्यायवेवस्थ मंत्री आलेक्स सिक्केरा हांणी आयज राजिनामो दिलो

३० गरजु गोंयकारांक हक्काचे घर दिवपाक बलराम चेरीटेबल ट्रस्ट येसस्वी जाला अशी म्हायती ट्रस्टाचे अध्यक्ष रमेश तवडकार हांणी दिल्या

राज्यसभेचे वांगडी सदानंद शेट तनावाडे हांणी आयज नवी दिल्लींत केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडवीया वांगडा बसका घेतली.

नुस्तेमारी मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांचे हस्तुकीं आयज कुटबण नुस्तेमारी जेटीचेर घाणयारे उदक प्रक्रिया प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर घालो

आता पुराय खबरो

30/55

मुखेल्मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी आयज नवी दिल्लींत माननीय प्रधानमंत्री नरेंदर मोदी हांची भेट घेतली तांच्या सांगाता श्री संस्थान गोकर्ण परगली जीवनथम मठचे अध्यक्ष श्री श्रीनिवास डेम्पो आनी उपाध्यक्ष आर.आर.कामत हजार आशील्ले.

तेराव्या शेंकड्यांत जगद्गुरु माध्वाचार्य हांच्या आदेशाखाला स्थापन जाल्ल्या श्री संस्थान गोकर्ण परगळी जीवनथम मठाच्या येवपी 550व्या वर्साच्या उत्सवाक प्रधानमंत्री मोदी हांकां आमंत्रण दिले

125 रश्मी

गोंयच्या मंत्रिमंडळात फेरबदल जावपाच्या चर्चेक निमणो आयज पुर्णविराम मेळा.गोंयच्य

राजकीय मळावेल्या अपडेटी प्रमाण कायदो आनी न्यायवेवस्थ मंत्री आलेक्स सिक्केरा

हांणी आयज मंत्रीमंडळांतल्यान राजिनामो दिलो .कायदो, न्यायवेवस्था
सयत  तांचेकडेन  पर्यावरण, बंदर कप्तान  कायदे वेव्हार ही खाती आशिल्ली. वैयक्तीक कारणांक लागून आपणे हो निर्णय घेतला अशें तांणी राजिनामो पत्रांत म्हणलां. (बयतेस 8सेक)

जाल्यार  गोंय विधानसभेचे सभापती रमेश तवडकार हे फाल्या सभापती पदाचो राजीमानो दितले असी म्हायती स्वत रमेश तवडकार हांणी दिल्या. आपणाक सभापती पद दिल्ले तेन्नाय आपणे ते बरपांन साबाळ्ळे आता पक्षान आपणाक मंत्रीपदाची जापसालदारकी दिवपाची थारायला. पक्षाफुडे हांव व्हड न्ही. पक्षाचो निर्णय सर्वश्रेश्ठ अशी प्रतिक्रिया रमेश तवडकार हांणी पत्रकारांकडे उलयताना आयज पणजेत दिल्या.

 इतलेमजगती आदले मुख्यमंत्री दिगंबर कामत आनी सभापती रमेश तवडकार  ह्या दोगांकुय  राजभवनाचेंर फाल्या दनपरा  12 वराचेंर मंत्रीपदाचो सोपुत दिवपाची औपचारीक सोपुतविधी कार्यावळ जातली.

100 सर

राज्यसभेचे वांगडी सदानंद शेट तनावाडे हांणी आयज नवी दिल्लींत केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडवीया वांगडा बसका  घेतली .हे बसकेंत ताणी उत्तर गोंयांतल्या दिवचल हांगाच्या मुळगांवात 150 खाटींचें ईएसआयसी हॉस्पिटल स्थापन करपाचे गरजेवीशी  राज्यसभेत केलेल्या खाशेल्या उल्लेखाचा पाठपुरावो केलो. तांणी ह्या प्रस्नाची गंभीरताय अधोरेखित करताना सांगले की गोंयांत 2.54 लाखां वयर विमाधारक व्यक्ती आनी  सुमार ८पूज्य ५ लाख लाभार्थी लावार्थी ईएसआयसीचेर आदारून आसतना उत्तर गोंयांत अजूनय समर्पीत ईएसआयसी हॉस्पिटल ना  . बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ल्या ह्या प्रकल्पाची मंजुरी, निविदा आनी बांदकाम नेटान पुराय जावचे जाका लागून उत्तर गोंय जिल्ह्यांतल्या कामगारांक गरजेच्यो भलायकी सेवा मेळूंक शकतले अशी विनंती ताणी केली.

100 रश्मी

बलराम चेरीटेबल ट्रस्टावतीन फाटल्या दोन वर्सासांवन श्रमधाम ह्या उपक्रमावरवी ४० घरा  गरजुंक बांदुन दिल्यात. जाल्यार  आता तिसऱ्या टप्यात  काणकोण, सांगे, सावर्डे, आनी प्रियोळ मतदारसंघातल्या ३० गरजु  गोंयकारांक  ट्रस्टावतीन हक्काचे घर दिवपाक बलराम चेरीटेबल ट्रस्ट येसस्वी जाला असी म्हायती ट्रस्टाचे अध्यक्ष आनी गोंय विधानसभेचे सभापती  रमेश तवडकार हांणी पणजे घेतिल्लया पत्रकार परीशदे वेळार दिल्या. Byte- ramesh tawadkar

मजगती २३ ऑगस्टाक पणजे कला अकादमीत  बलराम चेरीटेबल ट्रस्टावतीन श्रमधान ह्या उपक्रमाचेर म्हायती दिवपी खासा धिवेशन ट्रस्टान आयोजित केला. ह्या कार्यावळीक  मुखेल सोयरे  म्हण केंद्रिय  आदिवासी कल्याण मंत्री जुआल ओराम  तशेंच   गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाजीर आसतले.  कार्यावळ दनपरा तीन वराचेर  सुरु जातली अशी म्हायती  रमेश तवडकार  हांणी दिल्या.

सुशांत 80

नुस्तेमारी मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांचे हस्तुकीं आयज बेतूल लागसार आशिल्ल्या  कुटबण नुस्तेमारी जेटीचेर सुमार 2.70 कोटी रुपया खर्च करून 100 केएलडी क्षमताय आशिल्ल्या घाणयारे उदक प्रक्रिया प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर घालो. फुडल्या तीन म्हयन्यांत आमी हो प्रकल्प पुराय करतले अशें आश्वासन  हळर्णकार हांणी दिलें. कुटबण जेटीचेर नितळसाण दवरपा खातीर सरकार सगले यत्न करीत आसा. पूण थळाव्या नुस्तेकारांनी ह्या यत्नांक सहकार दिवपाचें आवाहन तांणी केलें.

नुस्तेंमारी बोटींचेर काम करपी कामगारांचे सोयी खातीर जेटीचेर बांदिल्ल्या 50 कुडींच्या शौचालयाचें उक्तावणय मंत्री  हळर्णकार हांणी केलें.

.रश्मी ९५
गोवा प्रदेश काँग्रेस समिती वतीन आयज आदलो प्रधानमंत्री  राजीव गांधी हांची जयंती मनयली. ह्यावेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी राजीव गांधी हांच्या बांबोळे राजीव गांधी वैजकी संकुलात आशील्ल्या पुतळयाक आर्गा ओपली .ह्यावेळार काग्रेस पक्षाचे कार्यकर्ते हाजीर आशील्ले. गोंयाक राज्याचो दर्जो दीवपाक,तशेंच कोंकणी भाशेक  मान्यताय दीवपाक, पंचायत राज,तशेंच म्हायती तंत्रगिन्याय चालीक लावन राजीव गांधी हांणी तांच्या दुरदृश्टीतल्यान देशाची उदरगत केल्या अशे युरी आलेमाव हांणी म्हळा.
सुशांत ९५

मडगांव रवींद्र भवनाचें दुरुस्तीचें काम ऑक्टोबर निमाणें मेरेन पुराय करपाचें लक्ष्य आसा. कामांची पळोवणी करपा खातीर कलाकार विजय केंकरे हांचे अध्यक्षते खाला समिती स्थापन केल्या, अशी म्हायती रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी दिली. हे वेळार उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार, वांगडी सचीव सीमा दळवी हजर आशिल्ले. आमदार दिगंबर कामत आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडाकारान हें काम फुडल्या साठ दिसांनी पुराय करतले रवींद्र भवनांतलीं कामां करतना, मुखेल

सभाघराचें काम पयलीं हातांत घेतले. तशेंच ब्लॅक बॉक्स आनी एनेक्स इमारतीचें कामूय करतले. सगले कलाकार, निर्माते, दिग्दर्शक हांकां विस्वासांत घेवन हो निर्णय घेतला अशे तालक हांणी मुखार सांगलें.

सुशांत १४५
२० ऑगस्ट ह्या दिसा काेंकणी भाशेक भारताच्या संविधानाचे आठवे वळेरेत सुवात मेळिल्ली ताचो उगडास म्हूण आयज मडगाव तसेच कुडचडे हांगा काकणी राष्ट्र मान्यता दीस मोटे उमेदीन मनयलो. मडगांवां कोंकणी भाशा मंडळ, अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, गोवा कोंकणी अकादमी आनी रवीन्द्र केळेकार ज्ञानमंदीर विद्यालय ह्या संस्थांनी जोड पालवान मडगावच्या कोंकणी भवनात हो सुवाळो घडाेवन हाडिल्लाे. ह्यावेळार म्हालगडे साहित्यीक उदय भेंब्रे हे हाजीर आशिल्लेे. काेंकणीक राष्ट्र मान्यता मेळपी हाे दीस गाेंयचे खातीर म्हत्वाचो आसून ते खातीर हो दीस मनोवप सगल्या गाेंयकारांचे कर्तव्य जावन आसा अशें तांणी म्हळें.

कोंकणी अकादमीवतीन कुडचडे हांगाय अशी कार्यावळ घडोवन हाडिल्ली. ह्या कार्यावळीक थळावे आमदार निलेश काब्राल तसेच कुडचडेचे नगराध्यक्ष प्रसन्न भेंडे हे हाजीर आशिल्ले.

110 सुशांत
रवींद्र भवना कडल्यान कोंब मडगांवां सिनेमाटोग्राफर वैकुंठ कुंकळयेंकार हांची जल्मशताब्दी मडगाव रवीन्द्र भवन मनोवपाचे आसा अशी म्हायती मडगांव रवीन्द्र भवनचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी आयज दिली. फिल्मीजगात के. वैकुंठ ह्या नांवान वळखल्ले वैकुंठ कुंकळयेकार हे मुळ मडगांवचे सुपूत. त्या निमतान तांच्या कार्याचो गौरव करपाखातीर फुडल्या वर्सा जानेवारी म्हयन्यात तांच्या चित्रपटांचेर आदारित तीन दिसांचो फिल्म महोत्सव घडोवन हाडटले अशें तांणी सांगले

100 प्रसाद

बोरीच्या स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयांत गोंय राज्य आंतर-हायस्कूल घुमट आरती सर्त "घुमट क्षेत्र" ह्या नांवान कार्यावळ घडोवन हाडल्या.
फाल्या बिरेस्तार 21 ऑगस्ट 2025 वेर सर्त एस.व्ही.व्ही.एम. कॉलेज ऑडिटोरियम, बोरीत सकाळीं 8:30 वरांचेर सुरू जातली . कार्यावळीचो उद्देश गोंयच्या पारंपारीक लोककलेचो एक अभिन्न भाग आशिल्ल्या "घुमत आरती" (ढोल, ताशा, समेल, घुमट, कासाले आनी झांझ हांच्या तालार सादर केल्लीं भक्तीगीतां) तिगोवन दवरपाची आसा.

जान 55

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रमाण सगळयांक समान शिक्षणांच्यो संदी मेळपाचेर खासा भर दिला. समावेशक शिक्षण तत्व आपणायतले जाल्यार सगळया विद्यार्थ्यांक एका पाख्याखाला शिक्षण मेळपाक

जाय आनी म्हूण राज्य सरकारान अरबिंदो सोसायटी कडेन समजाकीयेची कबलात केल्या. ही संस्था २२ ऑगस्टा सावन राज्यातल्या पयली ते बारावी मेरेनच्या शिक्षकांक प्रशिक्षण दितली. गोवा सगग्र शिक्षा विभागाचे अधिकारी ह्या प्रशिक्षण कार्यावळीचेर लक्ष दवरतले.

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या तीन  दिसात  कोंकण आनी  गोंयात हकलो ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला . तशेच अरबी दर्याच्या कांय वाठारांनी आनी उत्तर कोंकण दर्यादेगेर वारे वराक 45 ते 55  किलो मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे खात्यान कळीत केला .

दिल्लींत चालू आशिल्ल्या धाव्या 14 वर्सां सकयल्या राष्ट्रीय टेनिस बॉल क्रिकेट सर्तींत चलयांच्या पंगडान सेमी फायनलींत जाल्यार चल्यांच्या  पंगडान क्वार्टर फायनलींत पावल घाल्यात.

भारतीय जिमनास्टीक क्लबान बेन्ळूरुत आयोजीत केल्ले जिमनास्टीक सर्तींत मडगांवच्या प्रीत सावंत देसाय हांणी फ्लोर  एक्जरसाईज विभागांत भांगरा पदक आनी वॉल्ट टेबल विभागांत  रुप्या पदक जिखलें.

आता परतून एक फावट मुखेल खबरो

मुखेल्मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी आयज नवी दिल्लींत माननीय प्रधानमंत्री नरेंदर मोदी हांची भेट घेतली

कायदो आनी न्यायवेवस्थ मंत्री आलेक्स सिक्केरा हांणी आयज  राजिनामो दिलो

३० गरजु  गोंयकारांक  हक्काचे घर दिवपाक बलराम चेरीटेबल ट्रस्ट येसस्वी जाला अशी म्हायती ट्रस्टाचे अध्यक्ष रमेश तवडकार हांणी दिल्या

राज्यसभेचे वांगडी सदानंद शेट तनावाडे हांणी आयज नवी दिल्लींत केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री मनसुख मांडवीया वांगडा बसका  घेतली.

नुस्तेमारी मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांचे हस्तुकीं आयज  कुटबण नुस्तेमारी जेटीचेर घाणयारे उदक प्रक्रिया प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर घालो

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार